१२-०३-२०२६

सकाळी : ८.४०

मुखेल खबरो :

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल तमिळनाडू खातीर पांच नव्या रेल्वे सेवांक पांचवो बावटो दाखयलो.

भारतान अस्तंत आशियातल्या भारतीय नागरिकांखातीर मजत वाडयल्या. लेबनॉन आनी कतारातल्यान वेवसायिक विमानांनी शेकड्यांनी भारतीयांक भारतात हाडले परत.

इराणान आखाती देशांवेले हल्ले बेगोबेग थांमोवचे अशी मागणी करपी थाराव जोड राष्ट्र सुरक्षा परिषदेन मंजूर केला.

एफआयएच बायलांच्या हॉकी संवसारीक वस्तादपण पात्रताय २०२६ सर्तीत, काल सांजे हैद्राबादात जाल्ल्या पूल बीच्या खेळात भारतान वेल्स पंगडाक ४-१ अशें हारयले.

भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळाने (बीसीसीआय) इंडियन प्रीमियर लीग (आयपीएल) २०२६ च्या पयल्या पावंड्याचे वेळापत्रक जाहीर केला.

PM Vaishnaw – 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल तमिळनाडू खातीर पांच नव्या रेल्वे सेवांक पांचवो बावटो दाखयलो. तातूंत दोन अमृत भारत एक्सप्रेस, दोन एक्सप्रेस रेल्वे, आनी एक प्रवासी गाडी हांचो आस्पाव आसा. ही रेल्वे सेवा जोडणी, पर्यटन, थळावी अर्थवेवस्था, तरणाट्यां खातीर घटमूट संद निर्माण करतली अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां. सुरू केल्ल्या गाडयांमदी नागेरकोइल-चारलपल्ली अमृत भारत एक्सप्रेस, पोदानूर-धनबाद अमृत भारत एक्सप्रेस, रामेश्वरम-मंगळुरू एक्सप्रेस, तिरुनेलवेली-मंगळुरू एक्सप्रेस, मायलादुथुराई-तिरुवारूर-करैकुडी रेल्वे हांचो आस्पाव आसा.

राज्यसभा - १२०

राज्यसभेत आयज ग्रामीण विकास मंत्रालयाच्या कामकाजाचेर चर्चा जातली. लोकसभेंत अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण विनियोग विधेयक, 2026 मांडटले, तातूंत भारताच्या एकत्रीत निधींतल्यान 2025-26 आर्थिक वर्सा खातीर सेवां खातीर कांय अतिरिक्त रक्कम फारीक करपाक आनी विनियोग करपाक अधिकृतताय दितले.

काल, लोकसभेत अध्यक्ष ओम बिर्ला हांच्याआडचो अविश्वास प्रस्ताव आवाजी मतदानान न्हंयकारलो. विरोधकांनी अध्यक्षांच्या प्रामाणिकपणाचेर प्रस्न उप्रासित केले हे दुर्दैव अशें सभाघरातल्या चर्चेत जाप दिताना, भाजपाचे ज्येष्ठ फुडारी आनी घरमंत्री अमित शहा हांणी म्हळे. लागीलागी चार दसकांउपरांत, अध्यक्षांआड अविश्वास प्रस्ताव हाडील्लो, जो संसदीय राजकारण आनी सभाघर दोघांखातीरुय

एक खेदजनक घडणूक अशेंय तांणी सांगले.अध्यक्ष हो पूराय सभाघराचो आसता, खंयच्याय राजकी पक्षाचा न्हंय अशेंय ते उलयले. सभापतीच्या प्रामाणीकपणाचेर दुबाव येवंक फावना अशें पक्ष मानता म्हणून भाजपा आनी एनडीए हांणी लोकसभेच्या अध्यक्षा आड केन्नाच अविस्वास प्रस्ताव हाडूंक ना अशें तांणी फुडें सांगलें.

ओम बिर्ला -

सभापती ओम बिर्ला हांका काडून उडोवपाची मागणी आशिल्ल्या विरोधी पक्षाच्या थारावाचेर लोकसभेंतल्या चर्चेंत वांटो घेतना, विरोधी पक्षांनी विरोधी पक्षांच्या कांय फुडाऱ्यांचो अहंकार भागोवपा खातीर हो थाराव हाडला अशे भाजपाचे रविशंकर प्रसाद हांणी म्हणलें.

भारत मजत - १००

भारतान अस्तंत आशियातल्या भारतीय नागरिकांखातीर मजत वाडयल्या. लेबनॉन आनी कतारातल्यान वेवसायिक विमानांनी शेकड्यांनी भारतीयांक भारतात परत हाडले. बेरूतातल्या भारतीय दूतावासाच्या म्हणण्याप्रमाण, १७७ भारतीय नागरिकांच्या पयल्या गटाक वेवस्था केल्ल्या चार्टर विमानातल्यान काल नवी दिल्लीत परतून हाडले. लेबनॉनातले भारतीय राजदूत नूर रहमान शेख हांणी बेरूत-रफिक हरीरी आंतरराष्ट्रीय विमानतळाचेर ह्या गटाक निरोप दिलो.

मजगतीं, कतारांत आडकून उरिल्ले 500 परस चड भारतीय काल कतार एअरवेजाच्या विमानांतल्यान भारतांत पावले अशी म्हायती कतारांतल्या भारतीय

दूतावासान दिल्या. प्रवासी नवी दिल्ली आनी मुंबईसयत वेगवेगळ्या सुवातेर वचपाक भायर सरले. फुडलो प्रवास बरो करपाखातीर कतार एअरवेज आयज भारतात नवी दिल्ली आनी  मुंबई अशी दोन अतिरिक्त उड्डाणा चलयतले. भारतीय नागरिकांखातीर पासपोर्ट जारी करपाची प्रक्रिया नेटान करपाखातीर खासा लक्ष दितात अशेंय दूतावासान  म्हळा.

पी एम एनडीए बसका -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केरळाचें नांव बदलून 'केरलम' करपाच्या ह्या निर्णयाची एनडीएच्या  बसकेंत तोखणाय केल्या केरळमाच्या कोची शारांत 'विकसीत केरळम विथ मोदी'ह्या नांवान जाल्ले एनडीएचे बसकेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी उलयताले. भूगोल, हवामान, तंत्रगिन्यान अशे जायते फायदे केरळांत आसात आनी लग्न आनी परिशदेचें तें पयलें स्थान जावंक जाय तशेंच पर्यटन, प्रतिभा, तंत्रगिन्यान ह्या क्षेत्रांत नवी संद निर्माण जातली अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी  हांणी सांगलें

जोड राष्ट्र सुरक्षा परिषद थाराव - १४०

इराणान आखाती देशांवेले हल्ले बेगोबेग थांमोवचे अशी मागणी करपी थाराव जोड राष्ट्र सुरक्षा परिषदेन मंजूर केला. हे हल्ले आंतरराष्ट्रीय कायद्याचे उल्लंघन करतात आनी आंतरराष्ट्रीय शांतीकाय आनी सुरक्षेक गंभीर धोका निर्माण करतात अशें परिशदेन म्हळा. हो थाराव १३ मतांच्या भोवमतान मंजूर जालो, जाल्यार दोन देश हे मतदानातल्या पैस रावले. खंयच्याच देशान तांच्या विरोधात मतदान करुंक

ना. इराणान बहरीन, कुवेत, ओमान, कतार, सौदी अरेबिया, संयुक्त अरब अमिराती आनी जॉर्डनवेले सगले हल्ले बेगोबेग थांमोवचे अशें आवाहन हे थारावात केला. रशिया आनी चीनान ह्या थारावांचेर टीका करताना ह्या थारावात अमेरिका-इस्रायलच्या इराणवेल्या हल्ल्यांचा कसलो उल्लेख ना अशें म्हळा. मजगतीं, इराणच्या रिवोल्यूशनरी गार्डान होर्मुझ सामुद्रधुनीचेर नियंत्रण दवरलां, हो म्हत्वाचो दर्यामार्ग आसून तातूंतल्यान संवसारांतली सुमार २० टक्के तेल आनी वायू पुरवण जाता. ह्या संघर्शाक लागून कच्च्या तेल आनी एलएनजीच्या दरांत वाड जाल्या आनी ताचो परिणाम संवसारभरांतल्या गिरायक आनी वेवसायांचेर जाला.

अस्तंत आशियां तणाव - १००

अस्तंत आशियांत तणाव नेटान वाडत आसा. इराणान पर्शियन आखातांतल्या वेपारी जहाजांक लक्ष्य करून संयुक्त अरब अमीरातांतल्या विमान येरादारीच्या मुळाव्या साधनसुविधांचेर हल्लो करपाचो यत्न केला. पोरन्या अबू धाबी विमानतळा लागसार उजो लागलो आनी ताचेर रोखडेच नियंत्रण हाडपाक येस मेळयले अशें अबू धाबी प्रशासनान म्हळा. हाचे आदीं 11 मार्चाक दुबय आंतरराष्ट्रीय विमानतळाचेर ड्रोन हल्ल्यांत भारतीय नागरिका सयत चार जाण जखमी जाले. इराणाच्या रिव्होल्यूशनरी गार्ड कॉर्प्सान आपल्या नौदलान होरमुझ सामुद्रधुनींतल्या दोन जहाजांचेर हल्लो करून तांकां धरले अशें म्हळा.

इराणी बँकेचेर जाल्ल्या हल्ल्याक जाप दितना ह्या वाठारांतल्या अमेरिका आनी इझ्राएल कडेन संबंदीत आशिल्ल्या अर्थीक केंद्रांक आनी बँकांक लक्ष्य करपाक शकता अशीय शिटकावणी रिव्होल्यूशनरी गार्ड कॉर्प्सान दिल्या.

Prez – 100

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज नवी दिल्लींत शेतकी अन्न प्रणालींत बायलो ह्या विशींच्या जागतीक परिशदेचें उक्तावण करतल्यो. "प्रगतीक गती दिवप, नव्या उंचायेर पावप." असो ह्या तीन दिसांच्या परिशदेचो विशय आसा. केंद्रीय शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान लेगित ह्या वेळार हाजीर आसतले. ही कार्यावळ जोड राष्ट्र संघटणेन जाहीर केल्ल्या आंतरराष्ट्रीय बायलां शेतकार वर्स 2026 वेळार जाता अशें भारतीय शेतकी संशोधन परिषदेचे महासंचालक डॉ. एम.एल. जाट हाणी सांगले. तंत्रीक नवनिर्माण आनी समावेशक शेतकी उदरगतीक चालना दिवपाक हि परिशद मजत करतली अशें तांणी म्हळें. भारत आनी संवसारभरांतले शास्त्रज्ञ, धोरण निर्माते, उद्देजक, बायल शेतकार, स्टार्टअप, आनी विद्यार्थी सयत 700 परस चड प्रतिनिधी ह्या परिशदेंत वांटो घेवपाचे आसात.

IMD – 50

हवामान खात्यान आयज गुजरातात कडक उष्णतायेच्या ल्हारांखातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केला. फुडले दोन दीस दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, केरळ, माहेत अशीच परिस्थिती आसतली असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. जम्मू-

काश्मीर, लद्‌दाख, झारखंड, ओडिशा, उत्तराखंड, आनी ईशान्य वाठारांत आयज गडगड आनी वीज पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. हिमाचल प्रदेश, अस्तंत बंगालांतल्या दोंगराळ वाठारांनी, तशेच सिक्किमांतूंय आयज अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.

हॉकी - ४०

एफआयएच बायलांच्या हॉकी संवसारीक वस्तादपण पात्रताय २०२६ सर्तींत, काल सांके हैद्राबादात जाल्ल्या पूल बीच्या खेळांत भारतान वेल्स पंगडाक ४-१ अशें हारयले. नवनीत कौर हिणे तीन गोल, तर साक्षी राणान एक गोल केला. ह्या जैतासयत भारतान उपांत्य फेरीतली सूवात निश्चित केली. फाल्या उपांत्य फेरीयेत भारत इटली पंगडा आड खेळतलो.

बीसीसीआय - १००

भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळाने (बीसीसीआय) इंडियन प्रीमियर लीग (आयपीएल) २०२६ च्या पयल्या पावंड्याचे वेळापत्रक जाहीर केला. ह्या पावंड्यार २८ मार्च ते १२ एप्रिल २०२६ मजगती खेळ जातले. ह्या काळात तीन राज्यांत विधानसभा वेचणुको जातल्यो, ताकालागून वेचणुकेचो तारखो जाहीर जाल्याउपरांतूच पूराय सर्तीचे वेळापत्रक जाहीर करतले.

बंगळुरूतल्या एम. चिन्नस्वामी स्टेडियमात रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू आनी सनरायझर्स हैदराबाद पंगडामदल्या खेळान ह्या सर्तीची सुरुवात जातली. उक्तावणा

उपरांत दुसऱ्या दिसा मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमात मुंबई इंडियन्स कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडा आड खेळतलो.

बंगळुरू, मुंबई, गुवाहाटी, न्यू  चंदीगड, लखनौ, कोलकाता, चेन्नई, दिल्ली, अहमदाबाद आनी हैदराबाद ह्या १० सुवातेर सर्तीच्या पयल्या पावंड्यात एकूण २० खेळ जातले.